**म्हायती खात्याचे जोड संचालक बर्वे हांणी कार्यालयाचो ताबो घेतलो.**

ता. 19 मे 2022

श्री. गणेश बर्वे हांणी आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या जोड संचालक पदाचो ताबो घेतलो. उत्तर गोंय अतिरिक्त जिल्हाधिकारी -2 म्हूण बदली जाल्ले खात्याचे आदले जोड संचालक श्री. केदार नाईक हांणी श्री. बर्वे हांचे कडेन कार्यालयाचो ताबो दिलो. खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी बर्वे हांका येवकार दिलो आनी परबी दिली.

पालवी म्हायती अधिकारी किरण मुनानकर, शांतो नाईक, श्याम गांवकार, म्हायती सहाय्यक सिध्देश सामंत, गोविंद गांवकार आनी खात्याचे हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

बर्वे हांणी हे आदी काणकोण आनी फोंडे नगरपालिकेचे मुख्याधिकारी आनी दक्षीण रानां समेट अधिकारी म्हूण काम केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/361

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji